२४-१०-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

नियंत्रकाची राश्टीय परीशद 150

केंद्रीय वजन आनी माप मंत्रालयाची देशातली पयली नियंत्रकाची राश्टीय परीशद गोंयात जाता.25 ओक्टोबराक जावपी ह्या एका दीसाच्या परीशदेत वेगवेगळ्या राज्यातले आनी केंद्र शासीत प्रदेशाचे सुमार 50 निंयंत्रक वाटो घेतले. हेविशी म्हायती दिताना मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगले... byte- digambar kamat

वजन आनी माप खात्याच्या कामात पारदर्शकता,डीजीटलायजेशन तशेंच गिऱ्हायकाक विस्वासाक पात्र थारपाच्या दीकेन ह्या परीशदेत चर्चा जातली अशी म्हायती गोंय वजन आनी माप खात्याचे मंत्री दीगंबर कामत हांणी दील्या.

वेंचणूक 65

दवर्ली-दिकरपाल पंचायतीचे सरपंच म्हूण काल मिनीन कुलासो हे वेंचून आयिल्ले. मात फकत चार वरांभितर तांच्याआड ६ पंच वांगड्यांनी अविश्वास थाराव दाखल केल्ल्यान ही वेंचणूक लक्षवेधी थारल्या.आदले सरपंच आनी उपसरपंच या दोगांयनीय आपल्या पदाचो राजीनामो दिल्ल्यान नवो सरपंच आनी उपसरपंच वेंचून काडपाखातीर ही वेंचणूक जाली. सरपंचपदाचे वेंचणुकेत मिनीन कुलासो हांणी

विद्याधर आर्लेकार हांचेर ७ आड ४ मतांनी जैत जोडले. जाल्यार उपसरपंच म्हूण संपदा नायक बिनविरोध वेंचून आयली.

प्रशांती तळपणकार 45

उत्तर अमेरिकेंतल्या टोरोंटो शारांत जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या 14व्या आवृत्तींत गोंयच्या प्रशांती तळपणकार हांका आंतरराष्ट्रीय विभागांतलो प्रतिशठीत उत्कृश्ट अभिनेत्री पुरस्कार फावो जाला; मांगीरीश बांदोडकारान दिग्दर्शीत केल्ल्या 30 मिनटांच्या कोंकणी लघुपट 'अन्सेसाव' ह्या सिनेमांत प्रशांती तळपंणकार हांका अभिनया खातीर हो पुरस्कार मेळ्ळा. हे विशी आमच्या प्रतिनिधीन तांची प्रतिक्रिया विचारली byte

प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम 140

कोंकणी भाशेंत खाजगी अनुवादकांचें एक पॅनल तयार करपाच्या हेतान खांडोळा सरकारी महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान राजभास संचालनालयाच्या जोडपालवान अल्प काळा खातीरचो तांत्रिकी अणकाराचो प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम आयोजीत केला. हो अभ्यासक्रम ६ दिसाचे काळा खातीर आसतलो. प्रशासकीय, कायदेशीर आनी शिक्षणीक अणकाराचो आस्पाव आशिल्ल्या तांत्रिकी अणकाराच्या प्रमाणपत्र अभ्यासक्रमा खातीर खांडोळा सरकारी महाविद्यालयान इत्सूक उमेदवार तशेंच खाजगी अनुवादकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवारां भितर तांत्रिकी अणकारांची तंत्रां आनी कुशळाटयेची उदरगत करपा खातीर तशेंच कोंकणी भाशेंत खाजगी अनुवादकांचें पॅनल तयार करपा खातीर ह्या अभ्यासक्रमाचो हेत आसा.

ह्या अभ्यासक्रमा खातीर चडांत चड ५० सिटां आसात. हांगां नोव्हेंबर ३ ते नोव्हेंबर ८ मजगतीं सकाळीं ९.३० ते ४.३० वरां मेरेन आसतलो. ह्या अभ्यासक्रमांत वाटेकार जावपा खातीर इत्सुकांकडे खयच्या फाट्यांत उच्च महाविद्यालाचें प्रमाणपत्र आनी १५ वर्साचो राबितो दाखलो गरजेचो आसा. २९ ओक्टोबर मेरेन अर्ज ऑनलायान वा ऑफलायन धाडचो.

MKB 65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या महिन्याच्या २६ तारखेक आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात देश-विदेशातल्या लोकांकडेन संवाद सादतले. हो तांच्या म्हयन्याळी कार्यावळीचो १२७ वाटो आसतलो . लोक तांचे विचार आनी सूचोवणो १८००-११-७८०० या टोल-फ्री क्रमांका वरवी सादर करूंक शकतात.

lmd 30

गोंय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .

क्रिकेट - १००

बायलांच्या आयसीसी संवसारीक कप क्रिकेट वस्तादपण सर्तीत काल नवी मुंबयतल्या डीवाय पाटील स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात भारतान न्यूज़ीलेंड पंगडाक 53 धावंड्यांनी हारोवन सेमीफायनलीत पावल घाले.

पयली फलंदाजी करताना, भारतान ४९ षटकांत ३ बाद ३४० धावंड्यो केल्ल्यो. पावसाची आडखळ आयिल्ल्यान हो खेळ ४९ शटकांचोच जालो.  भारताची सलामीवीर खेळगडे प्रतिका रावल आनी स्मृती मानधना हांणी बेसबरो खेळ करताना शेकडो मारलो. मानधनान १०९ जाल्यार प्रतिकान  १२२ धावंड्यो केल्यो. ह्या दोघांयनी बायलांच्या संवसारीक कप क्रिकेटच्या इतिहासात २१२ धावंड्यांची विक्रमी सलामी भागीदारी केली. ४४ षटकांत ३२५ धावंड्यांचे सुधारित डीएलएस मोख न्युझीलंडामुखार आशिल्ले. पूण तांका  ८ बाद २७१ धावंड्योच करप शक्य जाले. ब्रुक हॅलिडेन ८१ धावंड्यांचे योगदान दिले.